गोयच्या खेळगड्याक बरे प्रशिक्षण तशीच बरी साधन सुविदा दिवपाखातीर गोंय सरकार वावरता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

गोंय राज्य साधनसुविधा विकास महामंडळ अध्यक्षपदाचो मायकल लोबो हांणी मंगळारा ताबो घेतलो.

भगवान बीरसा मुंडा हांच्या १५० व्या जंयतीच्या फांटभुयेर आदिवासी कल्याण खात्यान राज्यात वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती आदिवासी कल्याण खात्याचे मंत्री रमेश तवडकर हांणी दिल्या.

भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या आदेशा प्रमाण गोंयांत आयज सावन विशेश मतदार वळेरी उजळणीच्या कामाक सुरवात जाल्या.

मडगावच्या मुखेल उत्सवामदलो एक आशिल्लो दिंडी उत्सव मोट्या भक्तीभावान आनी उमेदीन मनयलो.

कलंगुटचे आमदार मायकल लोबो हाणी आयज गोंय राज्य साधन सुविधा उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष म्हूण ताबो घेतलो. चालू आशिल्लीं कामां पुराय करप तशेंच गावगीऱ्या वाठारातली भलायकी केंद्रा, शारातली भौशिक भलायकी केंद्रा, भौशीक शौचालय, आनी गावगीऱ्या वाठारातली साधन सुविधा सुदारप ही आपली मोख आसतली अशें लोबो हांणी सांगलें.

गोंय साधनसुविधा विकास महामंडळा वतीन ज्या प्रकल्पांचीं कामां सुरू आसात, तीं डिसेंबर २०२६ मेरेन पुराय करतले. कामाचो दर्जो आनी उदरगतीचो आढावो हांव घेतलों, अशें मायकल लोबो हांणी म्हणलें. मुळाव्या भलायकी केंद्रांचीं दुरुस्ती कामां आनी हॉस्पिटलाच्या कामांक प्राधान्य दितले, अशेंय तांणी म्हणलें. कांय पर्यटक हॉटेल वा क्लबांनी वायट वागतात. तरी हॉटेल वा क्लबाच्या कर्मचाऱ्यांक कायदो हातांत घेवपाचो अधिकार ना. गोंय पर्यटनस्थळ आशिल्ल्यान पर्यटकांचे सुरक्षेचा प्राधान्यान विचार करपाक जाय. वायट वागपी पर्यटकांचेर कारवाय करपाचे आदेश मुखेलमंत्र्यांनी पुलिसांक दिवप गरजेचें आसा. हे खातीर मुखेलमंत्र्यां वांगडा चर्चा करतले अशें मायकल लोबो हांणी म्हणलें.

भगवान बीरसा मुंडा हांच्या १५० व्या जंयतीच्या फांटभुयेर आदिवासी कल्याण खात्यान राज्यात वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती आदिवासी कल्याण खात्याचे मंत्री रमेश तवडकर हांणी दिल्या. ते आयज पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत उलयताले. जल, जमिन आनी जंगलांच्या संरक्षणाखातीर ब्रिटीश काळात भगवान बिरसा मुंडा हांणी जे काम केला त्या कामाचो, तांच्या विचारसरणीचो प्रसार

आनी प्रचार करपाच्या हेतान ३१ ओक्टोबरासांवन राज्यभरात आदिवासी समाजाक सक्षम करपाच्या हेतान वेगेवगळयो कार्यावळीचे आयोजन कार्पट आयील्याचे मंत्री तवडकर हाणी सांगले. हे शिवाय ५ नोव्हेंबरांसावन राज्यात मुखिया सन्मेलनाचे आयोजन करतले ,तशेंच आदिवासी समाजातल्या सरकारी अधिकाऱ्यांचे ६ नोव्हेबंराक मडगांवा रवीद्र भवनात खासा सन्मेलन आयोजित करतले आशे तणी सांगले. ह्या सन्मेलनात फुडल्या १० वर्साभितर गोंयच्या आदिवासी समाजाची उदरगत कशा पद्दतीन करु येता ताचो रोड मेप तयार करुन तो २-३ म्हयन्याभितर प्रत्यक्ष चालीक लावपाच्या नदरेतल्यान काम जातले अशी म्हायती मंत्री तवडकार हांणी दिली. ८ नोव्हेंबराक साखळे दनपरा ३ वराचेर भगवान बिरसा मुंडा सांस्कृतिक संमेलनाचो उक्तावण सुवाळो जातलो. राज्यातल्या हेर म्हालांनी लेगीत ह्या संन्मेलनाचे आयोजन जातले. १३ नोव्हेबंराक काणकोणा शोभायात्रा तशेंच पदयात्राचे आयोजन केला, जाल्यार १५ नोव्हेबंराक राज्यभरातल्या वेगेवगेळ्या वाठारातल्यान थेट मडगांवमेरेन बायक रेलीचे आयोजन केला. ह्या रेलीत ८ हजार बायकर वाटो घेतले अशी म्हायती तवडकर हांणी दिल्या. राज्यातल्या सुमार १०० शाळांनी भगवान बिरसा मुंडा हांच्या जंयतीच्या फांटभुयेर वेगेवगळ्या सर्तीचे आयोजन ह्या काळात जातले अशीय म्हायती तांणी दिल्या.

लायन्स क्लब ऑफ फोंडा आनी गोवा शिपयार्ड हांणी दक्षिण गोंयांतल्या क्षयरोग दुयेंतींक फुकट जिवीत गरजेच्या वस्तूचे वाटप केले. दक्षिण गोंयांतल्या भलायकी केंद्रांच्या सुमार 125 दुयेंतींक हयो वस्तू वाटपांत आयल्यो. गोंय शिपयार्डाच्या सीएसआर येवजणे खाला दर वर्सा क्षयरोगी दुयेंतींक गरजेच्यो वस्तू वाटता. ही कार्यावळ दक्षिण गोंयांतल्या चिखली, लोटली, फोंण्या आयडी हॉस्पिटल आनी दक्षिण गोयातल्या हेर आरोग्य केंद्रांत चालीक लायली. ह्या वेळार गोंय शिपयार्डाचे मुखेल भलायकी अधिकारी डॉ. वेदपाल तारी, चिखली भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी, कार्यावळ समन्वयक सुदेश बोरकार फोंडा लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष शिवप्रसाद साळकर, सचिव सुदीप सिंघ, खजिनदार निलेश फडते आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

लायन्स क्लबाचें काम समाजाच्या जायत्या घटकांक मजतीच्या रुपान संवसारभर चालू आसा आनी गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या लायन्स क्लब खुब बारे काम करता अशे समन्वयक सुदेश बोरकार हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगले. लायन्स क्लबाचे वांगडी समाजांतल्या अंत्योदय तत्वा मेरेन मदत पावपाचें काम सदांच करतात आनी फुडाराक फोंडा लायन्स क्लबाकडल्यान जायत्यो उपेगी कार्यावळी चालीक लायतले अशेंय तांणी सांगलें. गोंय शिपयार्डांतल्यान जायत्यो सामाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात अशें डॉ.वेदपाल तारी हांणी सांगलें. क्षयरोग दुयेंतींक ल्हान ल्हान मजत मेळोवपा खातीर फाटल्या वरसासावन लायन्स क्लबाच्या सहकारान सतत ही कार्यावळ घडोवन हाडतात.

काल राती बांबोळे हांगा जाल्ल्या भिरानकुळ रस्तो अपघातात भारतीय सेपाक टक्करो म्हासंघाचे अध्यक्ष आनी संवसारीक सेपाक टक्करो म्हासंघाचे उपाध्यक्ष योगेंदर सिंग दहिया हांच्यासयत सेपाक टक्करो म्हासंघाचे सल्लागार आनी राष्ट्रीय रेफ्री अंकित कुमार बलियान हांका दुर्दैवी मरण आयलें.

पणजेसावन मडगांवां येता आसतना पणजेच्या दिशेन वचपी एका टँकरान तांचे गाडयेक धपको दिल्ल्यान हो अपघात जालो. ह्या अपघातात दहिया आनी बलियान हांका आक्ताक मरण आयले.

गोंय सेपाक टक्करो संघटनेचे अध्यक्ष आणि आदले पालवी मुखेलमंत्री चंद्रकांत कवळेकार हांणी दिल्ले म्हायतीप्रमाण, फाटल्या सप्तकात गोंयांत जाल्ल्या राष्ट्रीय सेपाक टक्करो सर्तीखातीर हे दोगुय गोंयांत आयिल्ले. सध्या गोंयांत राष्ट्रीय सेपाक टक्करो प्रशिक्षण शिबिर चालू आसा. ह्या शिबिराची पळोवणी करपाक ते मडगांवांत राविल्ले. काल पणजे एका कामाखातीर ते गेल्ले. परत येताना रातच्यावेळार हो अपघात घडलो. तांच्या दु:खेस्त मरणाखातीर सेपाक टक्करो म्हासंघाचेर दु:खाचे ल्हार पातळ्ळा अशें कवळेकार हांणी सांगलें.

भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या आदेशा प्रमाण गोंयांत आयज सावन विशेश मतदार वळेरी उजळणीच्या कामाक सुरवात जाल्या. मतदार वळेरी संबंदीत हरकती, मतदार वळेरींत नांवांचो आस्पाव करप किंवा नाव वगळावप, दुरूस्ती आनी हेर संबंदीत सेवां खातीर नागरिकांक मजत करपा खातीर उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालय आनी विधानसभा मतदारसंघांच्या संबंदीत मामलेदार कार्यालयांनी हेल्प डेस्क सुविधा स्थापन केल्यात.
९२८४५११०३८४ हो उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालय हेल्प डेस्क नंबरजवान आसा. हे भायर सगळ्या मतदारसंघांनी हेल्प डेस्क स्थापन केल्या.
८९९९७६७३४१ हो दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालय हल्प डेस्क नंबर जवान आसा. दक्षीण गोंयच्या सगळ्या मतदारसंघांनी हेल्प डेस्क स्थापन केल्या.

नागरिकांनी ह्या सुविधेचो लाव घेवन मतदार वळेरींत आपले नांव अचूक आशिल्ल्याची खातरजमा करून घेवची. तशेंच पात्र तारखे प्रमाण पिरायेची १८ वर्सां पुराय जाल्ल्या नागरिकांनी आपल्या नावाचो मतदार वळेरीत आस्पाव करपा खातीर आवश्यक अर्ज भरून दिवचो, अशें जिल्हाधिकाऱ्यांनी कळीत केलां.

गोयच्या खेळगड्याक बरे प्रशिक्षण तशीच बरी साधन सुविदा दिवपाखातीर गोंय सरकार वावरता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळां. ते फीडे वल्ड कप चाम्पियनशिप वरवी घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत उलयताले. गोंयांत आता कितल्योशोच आंतरराश्ट्रीय कार्यावळी जातात. खेळा मळावेल्यो अश्यो कार्यावळी

करपाक गोंय सरकारा सदाच तेको दितले अशे मुखेलमंत्री सावंत हांणी म्हळा. खेळा संघटनानंनी बरे खेळगडी तयार करचे अशे आवाहन तांणी ह्यावेळरा केला.

ह्यावेळार बुध्दीबळ खाळातले नामनेचे खेळगडी तशेंच ग्रेण्ड मास्टर विश्वनाथन आनंद हाजीर आशिल्ले. बुध्दीबळाचे लेव्हल आता वाडला. बुध्दीबळ खेळाची उमळशीक फकत हो खेळ खेळप्यांमदीच न्ही जाल्यार खेळ पळोप्यामंदी वाडील्लयाचे चित्र आता पलोवपाक मेळटा. गोंय राज्य हे फीडे सारख्या चम्पियनशिपीखातीर अनुकुल वातावरण दिवपी सुवात अशे ह्यावेळरा विस्वनाथन आनंद हाणी म्हळे. ह्यावेळार तांणी बुध्दीबळाविशी आपले अणभव उकतेले.

मडगावच्या मुखेल उत्सवामदलो एक आशिल्लो दिंडी उत्सव मोट्या भक्तीभावान आनी उमेदीन मनयलो. आयज मडगावच्या हरि मंदिरात जाल्ल्या गोपाळ काल्याच्या कार्यावळीन ह्या सुवाळ्याची सांगता जाली. ह्याच दिंडी उत्सवाचो एक वांटो म्हूण आयज राती हरिमंदिराच्या आंगणात पुण्यातल्यो गायिका भयणी अंजली गायकवाड आनी नंदिनी गायकवाड हांच्या गायनाची बैठक जावपाची आसा.

ते आदी काल राती सुरु जाल्लाे हाे सुवाळो फातोडेमेरेन चालू आशिल्लो. मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आपली घरकान्न सुलक्षणा सावंत हांचेसयत दिंडेच्या पालखेची भेट घेतली. मडगावचो हो दिंडी सुवाळो पुराय गोंयांत फामाद आसा. फुडल्या वर्सा जावपी दिंडेचो ११७ वो सुवाळो आनीकय मोट्या दबाज्यान करतले अशें तांणी सांगलें.
काल दिंडी निमतान मडगावां वेगवेगळ्या सुवातींनी गायनाच्यो बैठको जाल्यो. तातूंत राजयोग धुरी आणि स्वरांगी मराठे हांच्या मुखेल बैठकीचो आस्पाव आसलो.

देशातल्या तशेंच संवसारभरातल्या विद्यार्थ्यांक संगणका विशीं उत्सुकताय निर्माण करचे खातीर तयार केल्या बेब्रास इंडिया चलेंज हें सर्तीत गोयकार विद्यार्थ्यांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशें गोवा राज्य शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्थेच्यो संचालक मेघना शेटगावकर हांणी केलां. ८ ते १९ वर्सा पिरायेचे विद्यार्थी ह्या सर्तीत वांटेकार जावंक शकतात. ३ नोव्हेंबर ते १६ नोव्हेंबर अशी १३ दिस ही सर्त चालू उरतली. Challenge@bebrasindia.org ह्या संकेतथळार ह्या सर्ती विंशी सगळी म्हायती उपलब्ध आसा.

रणजी करंडक एलिट क्रिकेट सर्तित गोंयच्या पंगडान पंजाबचेर जैत जोडले. मंथन खुटकर, कर्णधार स्नेहल कवठणकर हाणी अर्धशतक मारले.